

# ॥ अथ श्रीसाईसच्चरीत ॥ अध्याय २४ ॥

॥ श्रीगणेशाय नमः ॥ श्रीसरस्वत्यै नमः ॥ श्रीगुरूभ्यो नमः ॥ श्रीकुलदेवतायै नमः ॥ श्रीसीतारामचंद्राभ्यो नमः ॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथाय नमः ॥ फाटल्या अध्यायांत दिल्लें वचन । साईनाथगुरू करुणाघन । फकांडां विनोदांतल्यानूय दिताले शिकवण । कशी ती आतां सांगतां हांव ॥१॥ 'सांगतां हांव' हो अहंकार । आसचें गुरूपदाचेर निरहंकार । तातूंतल्यानूच कथेक पाझर । फुट्टा सादर करचो सेवन ॥२॥ नित्य निर्मळ [१]निष्कल्मष । साधू सज्जन महापुरूस । नितळ चकचकीत जशें आकाश । शुद्ध निर्दोश तशे ते ॥३॥ म्हाराज साईंचें भजन । स्वार्थ आनी परमार्थ साधन । स्वस्वरुपांत अनुसंधान । पूर्ण समाधान अंतरांत ॥४॥ जाची इत्सा सादपाचें स्वहीत । ताणें धरचो आदर कथेंत । भोगीत रावचो परमानंद । करचें सार्थक जिणेचें ॥५॥ आयकल्ल्यान मेळटली निजविश्रांती । पयस जातली भवभंयाची भ्रांती । परमानंदाची जातली प्राप्ती । श्रोत्यांक सद्‌गती रोखडीच ॥६॥ अंतरसाक्ष साईसमर्थ । वळखता पूर्ण भक्तांचो भावार्थ । संपादून निजकर्तव्याचो अर्थ । जातलो वचन निर्मुक्त ॥७॥ बुद्‌दी दिणारे साईसमर्थ । तेच उलोवन घेतात निजवचनार्थ । सांगतां यथामती ताचो भावार्थ । स्वार्थपरमार्थ साधक ॥८॥ न्हय कुड्डे न्हय रातांधळे । लोक कुड्डे आसून दोळे । फकत बळान हे देहबुद्‌दीचे । हीत आपलें कळना तांकां ॥९॥ देह तरी हो आसा असो । ना खीणभराचो भरवंसो । पसरतां हांव पदराचो पोसो । खीण एक रस चाखपाक ॥१०॥ फकांडां विनोदांतल्यान प्रेम करीत । आगळे रितीन

---

१. निश्पाप.

अशे बाबा वागत । त्याच फकांडांतल्यान सारूय सांगीत । हिताचो जो सगल्यांच्या ॥११॥ लोक लागनासले फकांडांच्या नादाक । तरीय आशेताले बाबांच्या फकांडांक । केन्ना तीं येतलीं आपल्या वांट्याक । पळयताले वाट खोसयेन ॥१२॥ फकांडां हरशीं आवडनात कोणाक । हीं फकांडां मानवतालीं सगल्यांक । वयल्यान जेन्ना अभिनयाचे भरीक । कार्यूय तें जातालें रोखडेंच ॥१३॥ सहज अभिनव यत्नां वीण । हांसत्या मुखान, दोळ्यांचे खुणेन । फकांड जातालें जेन्ना रसपूर्ण । गोडी वर्णुवप अशक्य ताची ॥१४॥ आतां सांगतां एक अणभव । कथा अल्पबोध अभिनव । फकांडांतल्यानूय परमार्थ उद्भव । आयकात व्हडवीक ती उतरांची ॥१५॥ सप्तकांतलो दरेक आयतार । भरता शिरडीक व्हड बाजार । माटव घालून उकताडार । चलता वेपार खरेदी विक्रीचो ॥१६॥ थंयच मागीर रस्त्या देगेन । पडटाल्यो भाजयेपाल्याच्यो राशी येवन । तेली [1]तांबोळी हांचें सामान । चवाठ्यार मांडटाले ॥१७॥ अशाच एका आयतारा । बाबां कडेन दनपारां । पांय चेपीत बशिल्लो आसतना । घडलें एक अजाप ॥१८॥ त्या दनपाराचो दरबार । सदांच भरतालो चिक्कार । तातूंत बाजार आनी आयतार । गर्दी उपाट लोकांची ॥१९॥ सरळ बाबांच्या फुड्यांत बसून । मान सकयल बागोवन । चेपतालों हांव तांचे चरण । नामस्मरण करीत ॥२०॥ माधवरावजी दावे वटेन । वामनराव उजवे वटेन । [2]श्रीमंत बुट्टी तिसरे वटेन । बशिल्ले सेवे खातीर ॥२१॥ [3]काकाय थंयच बशिल्ले । इतल्यान माधवराव हांसले । कितें अण्णासायब ते थंय कसले । दिसतात दाणे दशिल्ले ॥२२॥ अशें म्हणून [4]कोटाच्या हाताक । माधवराव बोटान लागले दाखोवंक । तेन्ना दशिल्ले ते घडयेक । दिसले दाणे कसले तरी ॥२३॥ ते कितें म्हूण पळोवंक गेलो । दोडिल्लो दावो हात लांब केलो । तातूंतल्यान चण्यांचो शिंवर जालो ।

१. पान सुपारी विकपी. २. श्रीमंत गोपाळराव बुट्टी. ३. हरी सीताराम दीक्षित. ४. आपल्या आंगा वयल्या.

लागलो लोक वेंचपाक ॥२४॥ वेंचून सगले एकठांय केले । पांच पंचवीस चणे जमले । थंयच फकांडांक निमित्त मेळळें । घडलें तरी अशें कशें ॥२५॥ तर्काचेर चल्ले तर्क । जो तो विचारांत जालो गर्क । चण्यांचो कोटा कडेन संपर्क । जालें अजाप सगल्यांक ॥२६॥ खाकी कोटाचे हे इल्लेशे घडयेंत । चणे हे इतल्या प्रमाणांत । आयले तरी कशे अजापीत । कळना जालें कोणाकूच ॥२७॥ चेपीत आसतना बाबांचे चरण । लावन नामांत पूर्ण ध्यान । मदींच हें चण्यांचें आख्यान । जालें उत्पन्न कशें म्हणून ॥२८॥ इतलो वेळ सेवेंत तरीय । पडलोना मदीं कसो एकूय । प्रस्न पडुये कोणाकूय । आसलो प्रकारूच अजापीत ॥२९॥ खंयच्यान तरी हे चणे आयले । घडयेंत भितर कशे पावले । सगलेच अजाप करीत रावले । तेन्ना उलयले बाबा तें आयकात ॥३०॥ विलक्षण पद्दती शिक्षणाच्यो । अनेकांच्यो अनेक तरांच्यो । वळखून त्या त्या मनशाच्यो । बाबा दीत शिक्षण तांकां ॥३१॥ तरा विचित्र म्हाराजांची । मार्ग, पद्दतूय भोव मजेची । अशी खंयच आयकल्या पळयिल्ल्याची । देख अजून तरी ना मेळूंक ॥३२॥ म्हणलें ‘‘हाका वायट संवय थोडी । एकल्यानूच खावपाची गोडी । आयज बाजाराची सादून [1]घडी । चणे रगडीत आयलो हो ॥३३॥ एकल्यानूच खावप बरें न्हय । खबर आसा म्हाका ताची संवय । आतां चण्यांचो मेळ्ळो पुरावोय । बेठेंच करपाचें अजाप कित्याक’’ ॥३४॥ सांगलें हांवें, कोणाक दिनासतना । खबर ना म्हाका खावप जेन्ना । थंय असली ही संवय केन्ना । लागत म्हाका कशी म्हणून ॥३५॥ बाबा हांवें आयजवेर । पळोवंक ना केन्ना शिरडीचो बाजार । मागीर चण्यांचो तो विचार । खावपाचें सोडुनूच दियात ॥३६॥ आसत जाका ही आसूं गोडी । म्हजी तरी ना अशी खोडी । आदीं दुसऱ्याक दिले बगर थोडी । खायना हांव वस्त कसलीच ॥३७॥ मागीर बाबांची पळयात युक्ती ।

---

१. संद.

कशी लायतात आपली भक्ती । आयकून म्हजी ही स्पश्टोक्ती । कितें उलयले दियात लक्ष ॥३८॥ ‘‘लागीं आसतलो ताका दितलो । नासल्यार तूं तरी कितें करतलो । हांवूय म्हूण कितें करतलों । स्मरण जाता व्हय म्हजें ॥३९॥ हांव आसां न्हय तुजे कुशीक । दिता व्हय म्हाका कुडको एक’’ । अशें चण्यांचें हें फकत कारण निमताक । पटयलें तत्त्व निश्चल ॥४०॥ [1]देवता [1]प्राण [1]अग्नी [2]वंचन । विश्वदेवांतीं करून अतिथिवर्जन । करतात जे पिंडपोशण । महादुशण त्या अन्नाक ॥४१॥ घडये दिसत हें ल्हान तत्व । वेव्हारांत लायतकूच भोव म्हत्व । रस आस्वादन हें उपलक्षणत्व । पंचविशयत्व हे तरेन ॥४२॥ विशयांत जाका आस । परमार्थ धरिना ताची आस । [3]तांचेर जो घालतलो कास । ताचो दास परमार्थ ॥४३॥ ‘‘[4]यदा पंचावतिष्ठंते’’ ह्या मंत्रान । जें सांगलां श्रुतीन । तेंच बाबान ह्या फकांडांच्या निमतान । केलें दृढ अदीक ॥४४॥ उतर स्पर्श रूप गंध । हे चौकडेचोय होच संबंद । कितलो बोधदिणो हो प्रबंध । कथानुबंध बाबांचो ॥४५॥ मन बुद्दी असले इंद्रियगण । करपाक लागतकूच विशय सेवन । करचें आदीं म्हजें स्मरण । तें म्हाका समर्पण अंशांशान ॥४६॥ इंद्रियां रावत विशया बगर । हें कल्पनेंत पसून घडप कुस्तार । ते विशय जर ओंपले गुरूचरणांचेर । येतली आसक्ती सहज ॥४७॥ काम म्हजे विशींचेंच करचें । राग आयल्यारूय म्हजेरूच रागवचें । अभिमान दुराग्रह ओंपचे । भक्तीन रावचें म्हज्या चरणांचेर ॥४८॥ काम राग अभिमान । वृत्ती जेन्ना उफाळटात कडकडून । म्हाकाच एक मोख करून । मारची शेंवटून म्हजेरूच ॥४९॥ क्रमाक्रमान अशे तरेन । करतलो हरी वृत्ती हनन । ह्या विखाराच्या ल्हारांतल्यान । करतलो निरसन तो गोविंद ॥५०॥ इतलेंच न्हय तर हे विकारजात । म्हज्या स्वरुपांतूच नाश पावतात । वा म्हज्या रुपांतूच ते स्वय जातात । विसवतात

---

१. इंद्रियाधिष्ठीत आनी हेर देवता, प्राण अपान उदान हे पंचप्राण, पंचाग्नी. २. फसोवप. ३. विशयांचेर. ४. कठोपनिषद्, अ. २, वल्ली ३, मं. १०.

म्हज्या चरणांचेर ॥५१॥ अशें जातकूच अभ्यसन । वृत्ती आपसूक जाता क्षीण । काळांतरान समूळ निर्मुलन । जाता मन वृत्ती मेकळें ॥५२॥ गुरू आसा फुड्यांत कायम । अशी जातकूच बुद्‌दी ठाम । ताका हें असलें [१]काम । विशय बादना केन्नाच ॥५३॥ जंय हो सद्‌भाव ठाम जालो । थंयच भवबंध उलगडलो । विशय विशयांत गुरू प्रगटलो । विशयूच नटलो गुरूरुपांत ॥५४॥ मात्त पसून विशयसेवनांत । बाबा आसात फुड्यांत । [२]सेव्य असेव्यता विचार मनांत । पळयना फुडेंच उठ्ठलो ॥५५॥ असेव्य विशय आपसूक सुट्टा । वेसनी भक्ताचें वेसन तुट्टा । असेव्यार्थ्याचें मनूय विट्टा । वळयतकूच दृढ अभ्यासान हें वळण ॥५६॥ विशय [३]निग्रहांत जाता सादर । वेद त्या निग्रहाचो [४]आकर । विशय सेवन नेमा प्रमाण मागीर । वागना स्वच्छंदीपणान ॥५७॥ अशी संवय लागतकूच मनाक । क्षीण जाता विशयाची आस । आवड जाता गुरूभजनांत । येता कोंबरी शुद्ध ज्ञानाक ॥५८॥ शुद्ध ज्ञान लागतकूच वाडीक । देह बुद्‌दीची तुट्टा बेडी । अहंब्रह्मांत बुडी ते बुद्‌दीक । दितकूच सूख समृद्धी रोखडीच ॥५९॥ देह जरी हो [५]क्षणीक । तरीय तो परमपुरुशार्थ साधक । जो प्रत्यक्ष मोक्षा परस अदीक । काय दाखोवपी भक्तीयोग ॥६०॥ चारूय पुरुशार्थां वयर । हो पुरुशार्थ पांचवे सुवातेर । अशक्य पावप ह्या योगाचे तेंगशेर । अलोकीक तरा भक्तीची ॥६१॥ गुरूसेवेन जो जाता कृतार्थ । ताका कळटा हें वर्म यथार्थ । भक्ती ज्ञान वैराग्य सुवार्थ । तोच पावतलो परमार्थाक ॥६२॥ गुरू आनी देव हातूंत । भेद पळयता जाचें चित्त । ताणें पुराय भागवतांत । पळयलोच ना भगवंताक ॥६३॥ वाचलें संपूर्ण रामायण । कळ्ळेंच ना रामाची सीता कोण । ते खातीर भेदभाव सोडून । मानचे गुरू–देव एकूच ॥६४॥ घडटकूच गुरूसेवा निर्मळ । जातल्यो विशयवासना [६]निर्मूळ । चित्त जातलें नितळ सोज्वळ । स्वरूप उज्वल प्रगट्टलें ॥६५॥

१. विधी. २. उपभोगां विशीं. ३. नियमन, निश्चेव. ४. मूळ सुवात. ५. खिणयाळो. ६. आदार नाशिल्ल्यो.

आसूं, इत्साशक्त जातकूच प्रबळ । चणे बाबांच्या हातचो मळ । हाचे परसूय विलक्षण करपाक खेळ । लागना तांकां काळवेळ ॥६६॥ फकत पोटाच्या आकर्शणान । इंद्रियांच्या लोकीक गारुडीन । घुंवडावन भारयिल्ले हाडांचे कांडयेन । काडटा जो इत्सीत पदार्थ ॥६७॥ साईनाथ गारुडी अलोकीक । कितली तांच्या खेळाची व्हडवीक । इत्सा जातकूच खिणांत एक । काडटले चणे अगणीत ॥६८॥ तरी सार कितें हे कथेचो । मुद्दो आमी थंयच थांबोवचो । पांचां मदल्या खंयच्याच विशयाचो । घेवचो न्हय उपभोग बाबां बगर ॥६९॥ मनाक दितकूच ही शिकवण । वेळावेळार जातली आठवण । दितना घेतना साईचरण । लक्ष उरतलें कायम ॥७०॥ हे सगूणमुर्ती शुद्धब्रह्म । दोळ्यां मुखार रावतले खात्रेन । भक्ती मुक्ती विरक्ती उपजून । परमप्राप्ती मेळटली ॥७१॥ पळयतकूच हें सुंदर ध्यान । न्हिवतली संवसाराची भूक तान । शेणटलें [१]ऐहीक सुखाचें भान । जातलें मन धादोशी ॥७२॥ ओंवी स्मरना याद केल्यार । पूण याद जाता बसतकूच दांत्यार । तशी ही चणकलिला सांगतकर । जालें स्मरण सुदामकथेचें ॥७३॥ एकदां राम कृष्ण सुदामा । सेवा करीत आसले गुरू [२]आश्रमा । लांकडां हाडपाच्या कामा । कृष्ण बलराम हांकां धाडले ॥७४॥ गुरूमातेचे आज्ञेन । कृष्ण बलराम गेले रानाचे वटेन । मात तिणें तांचे फाटल्यान । धाडलो सांगाताक सुदामाक ॥७५॥ दिले चणे ताचे कडेन । भूक लागतकूच रानांत भोंवून । तिगांयनी ते खावचे सांगातान । सांगलें ताका गुरूमातेन ॥७६॥ फुडें रानांत कृष्ण मेळटकूच । ''दादा तान लागली'' म्हणटकूच । चण्यांचो विशय काडिनासतनाच । आयकात कितें उलयलो तें ॥७७॥ पियेवचें न्हय उदक रित्या पोटार । सुदाम्यान म्हणलें, घेयात सुसेग खीणभर । पूण उलयलोना चण्यांची खबर । बसलो कृष्ण मांडयेर ॥७८॥ पळोवन लागिल्लो कृष्णाचो दोळो ।

---

१. इहलोका संबंदींचें. २. सांदीपनी गुरूंच्या आश्रमांत सेवा करीता आसतना.

सुदामा चणे खावपाक लागलो । दादा कितें खाता, हो आवाज कसलो । विचारलें तेन्ना श्रीकृष्णान ॥७९॥ कितें रे आसा हांगा खावपाक । शिंयान कुडकुडटात दांत । विष्णुसहस्रनाम पसून तोंडांत । जमना स्पश्ट उच्चारपाक ॥८०॥ आयकून हें सुदाम्याचें उत्तर । सर्वसाक्षी कृष्ण परात्पर । म्हणलें आपणाकूय सपन खरोखर । पडलें ज्युस्त तसलेंच ॥८१॥ एकल्याची वस्त दुसरो खाता । कितें रे खाता अशें विचारतां । 'खातलों कितें माती', म्हणटां । म्हणलें [१]तथास्तुता वाणयेन ॥८२॥ आरे हें सपनूच आसलें आं दादा । तुमी म्हजे बगर खातले व्हय केन्ना । खाता कितें हो प्रस्नूय तेन्ना । सपनाच्या भारातूच विचारिल्लो ॥८३॥ आदल्या जल्मांत सुदामजीक जर । आसली कृष्णलिला खबर । घडचो नासलो हो गुन्यांव खर । भोगचो नासलो परिणाम ॥८४॥ तो तरी कितें सादोसुदो । अठरा विश्वां दरिद्री भिकाड्डो । तरीय जो कोण एकलोच खातलो । स्मरण तांणी हें दवरचें ॥८५॥ कृष्ण परमात्मा जाचो [२]सखो । असो हो भक्त सुदाम्या सारको । नीत सोडून जेन्ना वागलो । पडलो त्रासांत संवसारी ॥८६॥ तोच उपरांत घरकान्नीचे सांगणेन । मूठभर फोव ओंपीत प्रेमान । तेन्ना खुशाल जावन कृष्णान । ऐश्वर्यसंपन्न केलो ताका ॥८७॥ आसूं, आतां आनीक एक । सांगतां कथा बोधप्रदायक । सुरवातीक आनंद विनोदसूख । बोधदायक जी अखेरेक ॥८८॥ कोणाक आवडटा परमार्थबोध । कोणाक तर्क युक्तीवाद । कोणाक आवडटा फकांडां विनोद । आनंदीआनंद सकळांक तो ॥८९॥ हेंय आसलें फकांड एक । बाई-बुवा पेटलीं हट्टाक । साईदरबारांतूच लागलीं झगडपाक । पूण निभावलीं दाग लागनासतना ॥९०॥ हीय कथा परम सुरस । श्रोत्यांक खोसदिणी खूब । भक्त

---

१. तशेंच जावं. २. इश्ट.

**झगडटकूच अरस [1]परस । पिकतलो रस हास्याचो ॥९१॥ भक्त दामोदर [2]घनश्याम । बाबरे जांचें आडनांव । अण्णा चिंचणीकर टोपणनांव । प्रेम उपाट बाबांचेर ॥९२॥ सभाव व्हड खरमरीत । कोणाचीच धरिनासले भीड मुरवत । उगड उलोवप योग्य अयोग्यतायेंत । बरें वायट पळयनासले ॥९३॥ सभाव अण्णांचो जितलो कडक । तितलोच सालस आनी सात्वीक । माथें जशें भरिल्लें तुबक । बोट तेंकतनाच फार जावपाचो ॥९४॥ सगलीं कामां तडकाफडकीं । उदारी म्हणटात ती खबर नासली । धरिनासले भीडभाड कोणाची । रोखठोक वेव्हार ॥९५॥ एकवेळ धरू येत उजो हातांत । अण्णा ताचे परसूय खर अत्यंत । मात ही निश्कपट सभावजात । तितलीच प्रिती साईंची ॥९६॥ अशेच एकदां दोन पारार । आसतना भरिल्लो दरबार । मशिदींत दावो हात दुरगाचेर । दवरून बशिल्ली स्वारी बाबांची ॥९७॥ बाबा तटस्थपणान पळयताले । नकळटना भक्तांची झगडींय लायताले । सोंपतना रागार फुगारूय जाताले । अखेरेक समजायताले दोगांकूय ॥९८॥ कोण बाबांची कूस दामताले । कोण पांय चेपताले । कोण फाट पोट रगडटाले । सेवा चलताली अशे तरेन ॥९९॥ बाबा बालब्रह्मचारी । मरणा मेरेन विर्यान शुद्धाचारी । करपाक दीत सेवा चाकरी । दादले अस्तुऱ्यो समेस्तांक ॥१००॥ अण्णा भायर ओणवे रावून । दावो हात चेपताले सवकासायेन । तेन्ना परिस्थिती उजवे वटेन । आयकात शांत चित्तान ॥१०१॥ थंय आसली एक [3]बाई । उपाट भक्ती बाबांचे पांयीं ।**

---

१. भोंवतणीं. २. हांकां अण्णा चिंचणीकर ह्या नांवान चडशे वळखताले. ते आनी तांची घरकान्न साईबाबांची व्हड भक्ती करतालीं. म्हणून तीं दोगांय बरींच वर्सां शिरडींतूच येवन राविल्लीं. कांय वर्सां उपरांत घरकान्नीक गांवांत आसतना मरण आयलें. ताचे उपरांत कांय दिसांनी अण्णाकूय गांवांत आसतनाच मरण आयलें. तांणी आपली सगली मालमत्ता आनी इस्टेट व्हड भक्तीन श्रींच्या खर्चा खातीर श्रीशिरडी संस्थानाक ओंपली. ‘श्रीसाईलीला’ म्हयनाळ्याच्या शके 1845 च्या 12व्या आंकांत तांच्या मृत्यूपत्राची प्रत छापल्या. ३. अस्तुरी

बाबा तिका म्हणटाले आई । मावशीबाय हेर लोक ॥१०२॥ वेणूबाय खरें नांव । कौजलगी हें आडनांव । मावशीबाय म्हणटालो सगलो गांव । अपार भाव श्रीसाईपदीं ॥१०३॥ अण्णांची जाल्ली पन्नाशी । तोंडांत नासली बत्तिशी । अणभवी जाणटी ती मावशी । लागलें झगडें दोगांयचें ॥१०४॥ अण्णांची सेवा घरकान्नी सयत । मावशीबाय आसली रांडाव मुळांत । दामतना बाबांची कूस पोट । आवरनासलो तिका स्वास उस्वास ॥१०५॥ श्रीसाई सेवेक सबळ । मावशीबाय मनाची निर्मळ । दोनूय हातांनी घालून पीळ । करताली मळणी पोटाची ॥१०६॥ फाटी कडल्यान पोटा मेरेन । दोनूय हातांनी बाबांक धरून । करताली घुसळण दामून चेपून । ताक घुसळिल्ले भशेन ॥१०७॥ साईनामांत लावन लय । चेपताली भंया विरयत मावशीबाय । बाबाय करिनासले हायहूय । मेळटाली थाकाय जिवाक तांच्या ॥१०८॥ चेपपाची तराच विलक्षण । पोट–फाट उडयताली घुसळून । हें जरी घडटालें प्रेमांतल्यान । तरीय दिसपाची काकुळट पळयतल्याक ॥१०९॥ साईंचें हें निश्कपट प्रेम । दिवन घेताले सेवा अनुत्तम । काय तें आपलें स्मरण अविश्रम । घडचें भक्तांक हेत होच ॥११०॥ आमची तपश्चर्या ती कितली । मेळूंक आमकां अशी संतसंगती । मात साईच दयाळू निश्चिंती । करिनासले उपेक्षा भक्तांची ॥१११॥ कितली त्या घुसळपांतली शक्त । बाबा सकयल वयर हालत । तिचीय तशीच जाताली गत । नवलाय कितली ही सेवेची ॥११२॥ अण्णा ओणवे तरीय स्थीर । बाई आपले सेवेंत [1]चूर । तातूंतल्यान तोंड जातालें सकयल वयर । घडलो प्रकार कसलो पळयात ॥११३॥ साईसेवेंत विसरून भान । चलताली सेवा अखंडपणान । सेवेच्या भारांत तिचें वदन । पावलें तोंडा कडेन अण्णांच्या ॥११४॥ पळोवन अशी ती संद । मावशीबायक सुचलो विनोद । म्हणलें

---

१. मग्न.

अण्णा, कसलो तुमकां हो नाद । घेवंक सोदतात उमो म्हजो ॥११५॥ धेंक ना पिकिल्ल्या केंसांचो । घेवंक पळयतात म्हजो [1]मुको । अशें आयकतकूच अण्णा सामको । फुरफुरलो तिडकीन तिचेर ॥११६॥ म्हणलें हांव इतलो म्हातारो । हांव कितें पिसो मूर्ख सामको । तूंच तेंकयता तोंडाक बोंचो । आनी वयल्यान झगडटा म्हजे कडेन ॥११७॥ पळोवन तीं झगडीं तांचीं । बाबांक कळकळ आयली दोगांयची । मिटोवपाक झगडीं तांचीं । येवजिली युक्ती प्रबळ ॥११८॥ प्रेमान म्हणलें ''आरे अण्णा । कित्याक बेठोच मांडला हो दणाणा । वायट कितें तेंच कळना । घेतल्यार उमो आवयचो'' ॥११९॥ आयकून दोगांय मनांत लजलीं । झगडीं फकांडां थंयच जिरलीं । आयकून सगलीं हांसपाक लागलीं । फकांडां तीं मानवलीं सगल्यांक ॥१२०॥ पळोवंक गेल्यार कथा थोडी । मार्मीक, श्रोते घेतले गोडी । थातारप कशीं असलीं झगडीं । दिसतली स्पश्ट कथेंत ॥१२१॥ आवय–पुता भशेन प्रिती । आसली जर दोगांय मदीं प्रेमबुद्दी । जाल्यार जावचीं नासलीं हीं झगडीं । वाद नासलो जावचोच ॥१२२॥ चाबकान मारल्यार हांसता । फुलांच्या मारान रडपाक येता । भावनेच्या बळान वृत्तीचीं ल्हारां । कळना अणभव हो कोणाक ॥१२३॥ आगळी साईंची कुशळटाय । उतरां प्रसंगा प्रमाण असुदाय । तातूंतल्यान श्रोत्यांक धादोसकाय । घेताले बोधूय तत्काळ ॥१२४॥ अशेंच एकदां रगडटना पोट । आयली भक्तांक काकुळट । पळोवन तिची अतिरेकी पद्दत । जालो हुसकोय सगल्यांक ॥१२५॥ म्हणलें बाई दया करात । अशी आसता व्हय रगडपाची रीत । थोडी तरी काकुळट धरात । तुट्टल्यो शिरो बाबांच्यो ॥१२६॥ पडना फुडें हीं उतरां कानांत । बाबांनी तत्काळ उठून बसत ।

---

१. उमो.

सटको आपलो घेवन हातांत । आपटिलो जमनीर नेटान ॥१२७॥ पळोवन तांचो तो अवतार । कोण उबो रावत मुखार । दोळे तांबडे भडंग प्रखर । घुंवताले जे चारूय वटयां ॥१२८॥ काळखांत माजराचीं बिबळां । तशे चकचकताले दोळे तेन्ना । दिसतालें दोळ्यांच्यो त्यो ज्वाळा । उडयतल्यो हुलपून श्रृश्ट सगली ॥१२९॥ सटक्याचें तोंक हातांनी धरलें । पोटाचे खळयेंत खोयलें । दुसरें खांब्यांत मुखार तोपलें । वेंगायलो घट्ट खांब्याक ॥१३०॥ सटको लांब सवाय हात । दिसलें गेलो पुराय पोटांत । आतां स्फोट जावन अंत । जातलो असो जालो भास ॥१३१॥ खांबो स्थीर, तो कसो हालत । बाबा लागीं लागीं आयले तेंकत । खांब्याक धरलो घट्ट वेंगेंत । उडलो आवरो पळोवप्यांचो ॥१३२॥ आतां जातलो पोटाचो स्फोट । सगल्यांनी घालें तोंडांत बोट । देवा कसलो हो प्रसंग दुर्घट । आयलें कसलें हें अरिश्ट ॥१३३॥ भंयभीत चिंतेस्त जाले भक्त । आयलो सगल्यांचेर आकांत । मावशेक लागुनूच हें अरिश्ट । भक्ताधीनताय हें ब्रीद ॥१३४॥ जेन्ना कोणूय सेवा करीत । मदींच जर कोणेंय आडखळ हाडीत । वा सेवेकऱ्याक कितेंय म्हणीत । मारतालो संताप बाबांक ॥१३५॥ आपलेपणान भक्तांच्या मनांत आयलें । तांणी मावशीबायक शिटकायलें । तांणीय बाबांचें हितूच चिंतिल्लें । परिणाम जावचो असो कित्याक ॥१३६॥ आसूं, आयली दया देवाक । मेळळी शांती साईंच्या मनाक । सोडून ते भिरांकूळ कल्पनेक । बसले ते येवन आसनार ॥१३७॥ भक्त जरी प्रेमळ प्रामाणीक । पळोवन बाबांचो सभाव कडक । लायलो तेन्नाच्यान खडो कानाक । घेतलो धडो कायमचो ॥१३८॥ तेन्नाच्यान केलो निर्धार । पडप ना भानगडीक अतप्पर । जाका जें दिसत हितकर । करपाक दिवचें ताका तशें ॥१३९॥ समर्थ स्वता सामर्थ्यवंत । निग्रह अनुग्रह ज्ञानवंत । गूण अवगूण

सेवकजनांत । पळोवचे आमी कित्याक ॥१४०॥ एकल्याची सेवा साईंक सूखकर । दुसऱ्याची ती आसता प्रखर । हे तरी निजबुद्‌दीचे विकार । कळना खरो प्रकार ॥१४१॥ आसूं, आतां हो मस्करी विनोद । घेवपी घेतलो हातूंतलो बोध । साईकथेचो रस आनंद । भक्तांक [1]मकरंद पियेवं दी ॥१४२॥ हेमाड साईचरणांचेर लीन । फुडल्या अध्यायांत आनीकूय गहन । भक्त दामोदराची इत्सा पूर्ण । करतले श्रीसाई दयाघन ॥१४३॥ तोय व्हड चमत्कार । संवसार त्रस्त दामोदर । ताका आपोवन आपले मुखार । हुसको ताचो घालयलो ॥१४४॥ संतसज्जनांनो तुमच्या आशिर्वादान । रचिल्लो भक्त हेमाडपंतान । जय अणकारीत श्रीसाईसच्चरितांतल्यान । फकांडां विनोद नांवाचो हो चोविसावो अध्याय सोंपता हांगाच ॥

॥ श्रीसद्‌गुरूसाईनाथार्पणमस्तु ॥ शुभं भवतु ॥

❍ ❍ ❍

१. फुलांचो रस.